**Panaji National**

**07 October 2026** **6.30 PM**

**PM On Viksit Bharat (36)**

दूरदृष्टीचे धोरण दवरून आनी कश्ट करून भारत 2047 मेरेन विकसीत राष्ट्र जावपाचें सपन पुराय करतलो असो विस्वास प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी व्यक्त केला. आयज नवी दिल्लींत जाल्ले 'विकसीत भारत संकल्प सभे'क संबोधीत करतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें...(PM On Viksit Bharat)

**25 years of PM Modi (44)**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सरकाराचे मुखेली म्हूण 25 वर्सां पुराय केल्ल्यात. प्रधानमंत्री मोदी ७ ऑक्टोबर २००१क गुजराताचे मुख्यमंत्री जाल्ले, उपरांत २०१४न तें देशाचें प्रधानमंत्री जाले; आयज ते सरकाराचे मुखेली म्हूण 25 वर्सां पुराय करतात. प्रधानमंत्री मोदी हांच्या नेतृत्वाबद्दल उलयताना केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह हांणी सांगलें....(Amit Shah)

**RBI REPO Rate (61)**

हालींच रेपो दरांत 25 बेसिस पॉयंटाची वाड जाल्ल्यान बँकांची पतपुरवठो वाडपाची गती कांय प्रमाणांत मंद जावंक शकता, पूण एकंदर अर्थीक विस्ताराचेर ताचो व्हडलोसो परिणाम जावपाची शक्यताय ना अशें भारतीय रिझर्व्ह बँकेन आयज सांगलें. पतपुरवठ्याची वाड घटमूट उरतली आनी अर्थीक कार्यावळीक आदार दितली, तातूंत कांय प्रमाणांत उतार-चढाव आयल्यार अर्थवेवस्थेचेर व्हडलोसो परिणाम जावचो ना अशें भारतीय रिझर्व्ह बँकेचे गव्हर्नर संजय मल्होत्रा हांणी सांगलें.

**Union Minister Annpurna Devi (91)**

देशांतल्या बायलांचो देशाच्या उदरगतीक आकार दिवपाक म्हत्वाचो वांटो आसता. नवी दिल्लींत संरक्षण अधिकाऱ्यांच्या राष्ट्रीय परिशदेंत उलयतना केंद्रीय बायलां आनी भुरगीं उदरगत मंत्री अन्नपूर्णा देवी हांणी सांगलें, देशांतल्यो आवयो, भयणी आनी धुवो जेन्ना सशक्त आनी सुरक्षीत जातल्यो तेन्नाच 'विकसीत भारता' चें सपन पुराय जातलें. बायलांमदीं सुरक्षेची आनी स्वाभिमानाची भावना निर्माण करप हें सरकाराचें

पयलें प्राधान्य आसा अशें तांणी म्हटलां. भारताची खरी तांकद बायलां  आसात हाचेर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचो खर विस्वास आसा. दरेक घर सुरक्षीत आसप आनी दरेका पीडित चलियेक बेगोबेग न्याय मेळोवन दिवप हे सरकाराचें उद्दिष्ट आसा अशेंय तांच्यांनी सांगलां.

**India & Ghana sign 2 MoUs (80)**

वैज्ञानिक संशोधन, शिक्षणीक क्षेत्र, क्षमता निर्माण, तशेंच शेतकी संशोधन आनी शिक्षण ह्या मळार सहकार्य आनीक घटमूट करपा खातीर भारत आनी घाना ह्या दोन देशांमदीं दोन समन्वय पत्रांचो आदान-प्रदान जाला. भारताचें परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस जयशंकरा हांच्या घाना भेटी वेळार ह्या करारांचो आदान-प्रदान जालो. हाचे वरवीं दोनूय देशांनी आपलो 'सहकार' घटमूट करपाचो यत्न केलो. सध्याच्या घडियेक, भारताचें परराश्ट्र मंत्री तीन देशांच्या भोंवडेर आसात. ते ह्या देशांतल्या आपल्या परराष्ट्र मंत्र्यांची भेट घेतले तशेंच  द्विपक्षीय चर्चा करून द्विपक्षीय संबंद आनी सहकार्य आनीक घटमूट करतले.

**Weather (64)**

भारतीय हवामान खात्यान नागालँड, मणिपूर, मिझोराम आनी त्रिपुरा हांगा एकसुरे सुवातेर पावस पडपाचो अदमास काडला. तशेंच आयज बिहार, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, हिमाचल प्रदेश, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, पंजाब, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल आनी उत्तर प्रदेशांत वीज आनी वादळी वाऱ्यावांगडा गडगड जावपाची शक्यताय आसा. हवामान खात्यान दिल्ले म्हायती प्रमाण उदेंत मध्य प्रदेशांतल्या कांय सुवातींनी ह्या म्हयन्याचे ९ तारखे मेरेन जाल्यार छत्तीसगडांत 10 तारखे मेरेन पावस पडपाची शक्यताय आसा.

**Sports (34)**

पुण्यांतल्या लश्करी खेळां संस्थेच्या खेळगड्यांनी आशियाई खेळां सर्तींत 12 पदकां मेळयल्यात.  एएसआयचे वट्ट 25 खेळगडे भारतीय पंगडाचो भाग आशिल्ले. जाल्यार आशियाई खेळां सर्तींत भांगरा पदक जिखपी भारतीय हॉकी पंगडाक अमृतसरांत व्हडा उमेदीन येवकार दिला.